## नाविकांक कळोवणी

## मांडवी न्हंयत शांळांच्या भुरग्यांखातीर पेंवपाचो कार्यक्रम

ता. 14 मार्च 2024

शिक्षा निकेतन स्कुल, तोर्डा बार्देस हांणी शाळेच्या भुरग्यांखातीर ता. 17 मार्च 2024 दिसा मांडवी न्हंयत रेईश मागूस फोर्ट ते फॉरेस्ट पार्क, कांपाल आनी यंग अचीव्हर्स मुळावी शाळा आनी किडस् कॅम्प स्कुल, आल्त पर्वरी बार्देश हांणी आपल्या शाळेच्या भुरग्यांखातीर ता. 18 मार्च 2024 दिसा मांडवी न्हंयत दिवाडी फेरी ते रायबंदर मजगती सकाळी 10.30 ते 12. 00 वरां मजगती पेंवपाचो कार्यक्रम आयोजीत केला. ते खातीर मांडवी न्हंयत वयल्या दोनीय कडल्या उदका मार्ग क्षेत्रातल्यान येरादारी करपी सगळ्यों बार्जी, प्रवासी लॉंची, क्रुईज बोटी, उदकाखेळ बोटी, पनेळ, फेरीबोटीं, नुस्तेमारी बोटीं, आनी हेर यांत्रिकीं आनी बिनयांत्रिकीं नाविकांनी मांडवी न्हंयत पेंवपी भुरग्यांक कसलीच आडखळ येवची न्हय म्हुण वयल्या काळांत बारीक नदर दवरून, सवकसायेन येरादारी करची आनी गरज पडली जाल्यार सुरक्षीत अंतराचेर थांबचे. तशेंच गस्तीचेर आशिल्ल्या बोटीवयल्यान तांबडो बावटो दाखोवन दिवपात येवपी सुचोवण्यांक पाळो दिवचो, अशें कॅप्टन ऑफ पोर्टस् खात्यान कळीत केला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/177

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan, Panaji – Goa.